# सोरो पिवन गाडी चलोवप्यांक बंदखण

ता. 22 जुलय 2018
1 श्रावण 1940

सोरो पिवन रस्त्यार गाडी चलोवप्यांक मोटार वाहन कायदो 1988 च्या कलम 185 प्रमाण बंदखणीसयत दंडाची ख्यास्त जावपाक शकता. आल्कोमिटराच्या तपासणेत 100 एमएल रगतात 30 मि.ग्रॅ. वयर आल्कोहॉल सापडल्यार पयल्या गुन्यावाखातीर स म्हयन्यामेरेन बंदखण वा दंड जो दोन हजारामेरेन वा दोनीय शिक्षा जावपाक शकता.

पयलो गुन्याव करून तीन वर्साच्या काळाभितर अशाच प्रकारच्या दुस-या वा फुडल्या गुन्यावाखातीर दोन वर्सां बंदखण वा दंड जो तीन हजारामेरेन वा दोनीय शिक्षा जावक शकता.

सोरो पिवन गाडी चलोवप्यांच्या गुन्यावांची गंभीर दखल घेवन हालीच फोंडेच्या न्यायालयान एका गुन्यावकाराक एका आठवडयाची बंदखण तशेच 2000/- रूपयांचो दंड आनी दंड भरलो ना जाल्यार एका म्हयन्याच्या बंदखणीची ख्यास्त फर्मायल्या. तशेच न्यायालयान 6 म्हयन्याखातीर वाहन चलोवपाचो परवानो रद्द केला.

सोरो पिवन गाडी चलोवप हे रस्त्यावयल्या अपघाताचे एक मुख्य कारण आसा आनी अशे गुन्यांव करप्यांचेर कडक कारवाय जावपाक जाय.